# <u>कोवीड कॅअर सेंटरांनी उत्कृश्ट भलायकी सुविधां</u>

ता. 16 जुलय 2020

राज्यांत कोरोनाचो संसर्ग पातळपाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर राज्य सरकारान आवश्यक उपाय करपा वांगडाच गरजेच्यो साधन सुविधां उपलब्ध केल्यात. तशेंच लोकांमदी कोवीड महामारीविशीं जागृताय करपा खातीर साबार उपाय चालू आसात.

सरकारान उत्तर गोंयांत दोन कोवीड कॅअर सेंटरां स्थापन केल्ली आसा. कळंगुट रेजिडन्सीत एक आनी दुसरे पेडे म्हापशेंच्या गोंय खेळां प्राधिकरणाच्या चलयांच्या हॉस्टेलांत कॅअर सेंटर स्थापन केला. ह्या कोवीड कॅअर सेंटरांनी असिम्पटोमेटीक दुयेंतीचेर उपचार करपात येता.

आहार तंज्ञाच्या सुचनेप्रमाण खाजगी आस्थापना कडल्यान कोवीड कॅअर सेंटरांनी दुयेंतीक पुश्टीक जेवण आनी हेर खावपाचे जीन्नस दितात. कॅअर सेंटरांनी नितळसाण राखपा खातीर खाजगी एजन्सी मार्फत हाऊसकिपींग सुविधां दितात. तशेंच सुरक्षेची वेवस्था खाजगी एजन्सी आनी पुलीसांमार्फत केल्या. कोवीड कॅअर सेंटरांनी नेमान सॅनिटायजेशन करपात येता. लॉंड्री सेवेखातीर वेगळ्या एजन्सीची नेमणूक केल्या. तशेंच सुको कोयर आनी बायोमेडीकल कोयराचो योग्य तरेन व्हिलो लावपात येता. दोतोर दुयेंतींची नेमान तपासणी करून आर्सेनिक आल्बम होमियोपथीक गुळयांवांगडाच हेर आवश्यक वखदां आनी प्रतिकारशक्त वाडोवपी जीवनसत्वां दितात.

सध्या उत्तर गोंयांत 6 आळाबंद वाठार आसात. आळाबंद वाठारांतल्या परिस्थितीचेर संबंदीत अधिकारी आनी प्रतिनिधी लक्ष दवरून आसात. आळाबंद वाठारांतल्या लोकांक आवश्यक खाणाजेवणाच्यो वस्तूं आनी जीन्नसांचे वितरण करपाची वेवस्था जिल्हा प्रशासनावतीन करतात. आळाबंद वाठारांत उजो पालोवपी दळावतीन सॅनिटायजेशन करपात येता. आळाबंद वाठारांत खबरदारीचे उपाय करपी कर्मचाऱ्यांक सॅनिटायजर, मास्क, हॅण्डग्लोवज आनी पीपीई कीट दिला. तशेंच आळाबंद वाठारांत जाय थंय मोबायल टॉयलेट उपलब्ध केल्यात.

कोरोनाच्या दुयेंतीक उत्कृश्ट आनी वेळार उपचार सुविधां मेळच्यो म्हुण सरकाराचे प्रयत्न आसा. कोरोनाच्या दुयेंसाआड लडपाखातीर लोकांनीय सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाक जाय. कोरोना संसर्ग पातळपाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर लोकांनी भौशीक जाग्यांचेर सोशल डिस्टन्सिंग पाळप, तोंडा-नाकाक मास्क घालप, सॅनिटायजर वापरप गरजेचे आसा. लोकांनी खोकली, जोर, थंडी, स्वास घेवपाक त्रास जावप अशीं लक्षणां आसत जाल्यार लागीच्या भलायकी केंद्रात वचून

दोतोराकडल्यान तपासणी करून घेवची. कोवीड हॉस्पिटल आनी कोवीड कॅअर सेंटरांनी दुयेंतींची योग्य तरेन काळजी घेतात आनी अनेक दुयेंती कोरोना दुयेंसातल्यान बरे जावन घरा गेल्यात.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/394

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA